*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**महिलांनी आपल्या प्रभागांनी महिला सशक्तीकरणाचे उपक्रमं राबोवचे-मुख्यमंत्री**

ता. 6 डिसेंबर 2019

पंचायत पातळीचेर लोकांचे प्रतिनिधीत्व करपी महिलांनी आपल्या प्रभागांनी महिला सशक्तीकरण आनी येणावळ दिवपी उपक्रमं राबोवपाची गरज आशिल्ल्याचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज सचिवालयात गोंय पंचायत महिला शक्ती अभियान पुरस्कार वितरण आनी सन्मान सुवाळ्याचे मुखेल सोयरे म्हुण उलयताना सांगले.

महिलांनी ग्रामपंचायत पातळीवयल्या वेंचणूकांनी वेंचून येव वा ना येव तांणी आपल्या नेतृत्व गुणांचो बरो उपेग करून समाज कार्य करपाचे चालू दवरपाक जाय, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

पंचायतमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो हांणी म्हणले,लोकशाय वेवस्थेत महिलांक आपले नेतृत्व गुण दाखोवपाची संद मेळ्ळ्या. तांणी आपल्या नेतृत्व गुणांचो योग्य उपेग करून समाजात आनी खास करून महिला वर्गामदीं सकारात्मक बदल घडोवन हाडपाक जाय. तांणी आपल्या वाठरांत विंगड विंगड उपक्रमांची अंमलबजावणी करून स्वतावांगडाच हेर महिला वर्गाक सशक्त आनी सबल करपाक जाय, अशेंय तांणी सांगले.

गोंय पंचायत महिला शक्ती अभियानच्यो अध्यक्षा नेली रॉड्रिगीज हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो, जाल्यार उपाध्यक्षा अंकिता नावेलकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जाॅआ/ विगां/ 2019/832

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA